**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________

   (Name) ____________________

2. (Signature) ____________________

   (Name) ____________________

**OMR Sheet No. :** ................................................

(To be filled by the Candidate)

**Roll No.** | | | | | | | |

(In figures as per admission card)

**Roll No.** ____________________

(In words)

**Test Booklet No.**

**D – 8508**

## PAPER – II

# KONKANI

**Time : 1¼ hours]** **[Maximum Marks : 100**

Number of Pages in this Booklet : **16** Number of Questions in this Booklet : **50**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the question booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the Test Booklet Number should be entered in the OMR Sheet and the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the oval as indicated below on the correct response against each item.

   **Example :** (A) (B) ⬬ (D)

   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the Answer Sheet given **inside the Paper I booklet only**. If you mark at any place other than in the ovals in the Answer Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your name or put any mark on any part of the test booklet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is NO negative marking.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी। पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें। खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं। दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें। इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे। उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा।**
   (iii) इस जाँच के बाद प्रश्न-पुस्तिका की क्रम संख्या OMR पत्रक पर अंकित करें और OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं। आपको सही उत्तर के दीर्घवृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है।

   **उदाहरण :** (A) (B) ⬬ (D)

   जबकि (C) सही उत्तर है।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये** उत्तर-पत्रक पर ही अंकित करने हैं। यदि आप उत्तर पत्रक पर दिये गये दीर्घवृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिन्हांकित करते है, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें।
8. यदि आप उत्तर-पुस्तिका पर अपना नाम या ऐसा कोई भी निशान जिससे आपकी पहचान हो सके, किसी भी भाग पर दर्शाते या अंकित करते हैं तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित कर दिये जायेंगे।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर उत्तर-पुस्तिका निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पैन का ही इस्तेमाल करें।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक ( कैलकुलेटर ) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है।**
12. **गलत उत्तर के लिए अंक नहीं काटे जायेंगे।**

# KONKANI

# कोंकणी

## PAPER – II

## प्रस्नपत्र – II

**सुचोवण्यो :** (i) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे कुशीक दिल्ल्या A, B, C, D ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षरांत दिवची.

(ii) दर प्रस्नाचे सारके जापेक दोन गूण दवरल्यात.

(iii) सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो दिवच्यो.

(iv) ह्या प्रस्न-पत्रांत वट्ट पन्नास (50) भौपर्यायी प्रस्न आसात.

**1.** थळ पुराणां खंयच्या वाठारांतल्या देवळांनी आसात म्हणपाचे उल्लेख मेळटात ?

(A) गोंय

(B) केरळ

(C) कर्नाटक

(D) आंध्र प्रदेश

**2.** 'इदुली वाटुली' हें शीर्शक किदयाचें आसा ?

(A) शब्दकोशाचे प्रस्तावनेचें

(B) कथा झेल्याचे प्रस्तावनेचें

(C) खाणा-जेवणाविशींच्या पुस्तकातले प्रस्तावनेचें

(D) काव्य झेल्याचे प्रस्तावनेचें

**3.** हालींच्या तेंपार गोंयाभायर हांतल्या खंयच्या शारांत कोंकणी शिकपाची वेवस्था जाल्या ?

(A) कोचीन

(B) म्हैसूर

(C) पुणे

(D) लखनौ

4. कोंकणी कवितेच्या वावराक ओंपिल्ल्या नेमाळ्याचो संपादपी कोण ?

(A) गोकुळदास प्रभु

(B) पुंडलीक ना. नायक

(C) रमेश भगवंत वेळुस्कार

(D) शरत्चंद्र शेणै

5. हांतले खंयचें वाक्य बरोबर आसा ?

(A) बाकीबाबाल्या 'सासाय' झेल्याक अभिजीतान प्रस्तावना बरयल्या.

(B) बाकीबाबाल्या 'सासाय' झेल्याक मनोहररायांनी प्रस्तावना बरयल्या.

(C) बाकीबाबाल्या 'सासाय' झेल्याक शणै गोंयबाबांनी प्रस्तावना बरयल्या.

(D) बाकीबाबाल्या 'सासाय' झेल्याक नागेश करमली हांणी प्रस्तावना बरयल्या.

6. मनोहरराय सरदेसाय हांणी खंयचें सदर कोंकणी दिसाळ्यांतल्यान बरोवपाक सुरवात केल्ली ?

(A) मनभूल

(B) दवरणें

(C) तिकली

(D) खडीसाकर

7. मंगळूरांतल्यान उजवाडा येवपी पयलें कोंकणी नेमाळें खंयचें ?

(A) राकणो

(B) कोंकणी दिर्वें

(C) पयणारी

(D) पंचकादय

8. फादर आंतोनियु पैरैरांच्या नांवान कोंकणीच्या मळार उल्लेखनीय वावर केल्लेबद्दल खंयची संस्था पुरस्कार भेट्यता ?

(A) गोवा कोंकणी अकादेमी

(B) तॉमास स्टीफन्स कोंकणी केन्द्र

(C) अस्मिताय प्रतिष्ठान

(D) दाल्गाद कोंकणी अकादेमी

9. केरळांतले कोंकणी बरपावळींतलें सगळ्यांत पोरणें धर्मीक काव्य खंयचें ?

(A) चेल्लय्या चरित्रम्

(B) श्रीकृष्ण चरित्रकथा

(C) श्री. वेंकटेश कल्याण

(D) लक्ष्मी प्रतिष्ठा

10. अर्थाचो अभ्यास भाशेच्या अभ्यासाचें दुबळें आंग हें मत्त कोणें मांडिल्लें ?

(A) फेर्दिनां द सोस्यूर

(B) नोम च्यॉमस्की

(C) एडवर्ड सपीर

(D) लॅनर्ड ब्लूमफिल्ड

11. गितांच्यो वळी आनी गितकार हांच्यो जोडयो लायात :

| | | | |
|---|---|---|---|
| (a) | शब्दुलेच्या फुला तुका भोंवरो जावन चुमतलो | (i) | बयाभाव |
| (b) | हात्यापरी हात गो तुजे गोरे गोरे पान | (ii) | युसुफ शेख |
| (c) | कोंबलेबाबानो साद रे घाला/आमगेर आयज बाबू जाला | (iii) | बाकीबाब बोरकार |
| (d) | वाट पळैतां दुकां गळैतां दोळे गेले सुजून | (iv) | चा.फ्रा. द कोश्ता |
| | | (v) | मनोहरराय सरदेसाय |

| | *(a)* | *(b)* | *(c)* | *(d)* |
|---|---|---|---|---|
| (A) | (iii) | (v) | (i) | (ii) |
| (B) | (ii) | (v) | (iii) | (iv) |
| (C) | (ii) | (iii) | (iv) | (i) |
| (D) | (iv) | (v) | (ii) | (iii) |

12. हांतलें खंयचें वाक्य चूक ?

(A) नादांची कसलीय अर्थपूर्ण रचना म्हळ्यार 'भाशीक रूप'

(B) वाक्य हें सगळ्यांत व्हडलें भाशीक रूप

(C) उतर हें सगळ्यांत ल्हान भाशीक रूप

(D) उतर हें सगळ्यांत ल्हान भाशीक रूप न्हय

13. मनोहरराय सरदेसाय हांगेलें उजवाडा आयिल्लें निमाणें पुस्तक खंयचें ?

(A) अ हिस्टरी ऑफ कोंकणी लिटरेचर

(B) पिसोळीं

(C) अठरा जून

(D) जायात जागे

14. आर्विल्ले भारतीय भाशेचो इतिहासीक आनी बांदावळीचे नदरेन अभ्यास करपी पयलें पुस्तक खंयचें ?

(A) द ओरिजिन ॲण्ड डिव्हेलपमेंट ऑफ बेंगाली लँग्वेज

(B) ला फार्मास्यों द ला लांग मारात

(C) द फॉर्मेशन ऑफ कोंकणी

(D) लिंग्विस्टीक सर्वे ऑफ इंडिया

15. साश्टीकार हिंदू आनी साश्टीकार क्रिस्तांव हांचे भाशेंत वेगळेपण आसा, कित्याक –

(A) ह्या दोन समाजां भितर समाजीक अंतर आसा

(B) ह्या दोन समाजां भितर भुगोलीक अंतर आसा

(C) साश्टीकार हिंदू हे खरेले स्थलांतरीत नागरीक

(D) साश्टीकार क्रिस्तांव हे खरेले स्थलांतरीत नागरीक

16. हातूंतलें खंयचें विधान बरोबर आसा ?

(A) केरळांत पयले गेल्ले गोंयकार वेपार करपाच्या निमतान गेल्ले.

(B) केरळांत गेल्ले पयले गोंयकार धर्मांतराच्या भंयान गेल्ले.

(C) केरळांत गेल्ले पयले गोंयकार भोंवडेखातीर गेल्ले.

(D) केरळांत गेल्ले पयले गोंयकार आपलो धर्म पातळावपा खातीर गेल्ले.

17. पुस्तकांच्या प्रकाशनाचो योग्य तो क्रम लायात.

(A) युगपुरुष शणै गोंयबाब; कथा-अरूण; पांयजेल; बाकीबाब बोरकार

(B) युगपुरुष शणै गोंयबाब, बाकीबाब बोरकार; कथा-अरूण, पांयजेल

(C) बाकीबाब बोरकर; युगपुरुष शणै गोंयबाब; कथा-अरूण; पांयजेल

(D) पांयजेल; बाकीबाब बोरकर; युगपुरुष शणै गोंयबाब; कथा-अरूण

18. फावो तो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| (a) | कोंकणी परिशदेचे संस्थापक | (i) | पेद्रु कुर्रेय आफोंस |
| (b) | कोंकणी भाशा मंडळाचो पयलो अध्यक्ष | (ii) | चंद्रकान्त केणी |
| (c) | गोवा कोंकणी अकादमीचो पयलो अध्यक्ष | (iii) | माधव मंजुनाथ शानभाग |
| (d) | 'सुनापरान्त' दिसाळ्याचो पयलो संपादक | (iv) | पुरुशोत्तम काकोडकार |
| | | (v) | रवीन्द्र केळेकार |

| | *(a)* | *(b)* | *(c)* | *(d)* |
|---|---|---|---|---|
| (A) | (iii) | (i) | (iv) | (ii) |
| (B) | (iv) | (ii) | (iii) | (v) |
| (C) | (ii) | (i) | (v) | (iv) |
| (D) | (i) | (iii) | (iv) | (ii) |

19. 'घर जांवय' ह्या उतराचो समास खंयचो ?

(A) संबंधी तत्पुरष समास

(B) कर्मधारेय समास

(C) द्विगु समास

(D) बहुव्रिही समास

**20.** हांतुतले बरोबर विधान खंयचें ?

(A) कोंकणीतलो पयलो कालिदास सन्मान शणै गोंयबाबाक मेळ्ळा.

(B) लोकवेदांत 'मांड' हे संकल्पनेक भौच म्हत्त्व आसता.

(C) अतिशयोक्ति, श्लेष, उपमा हीं नावां लक्षणेच्या प्रकारांची आसात.

(D) 'लुझितायण' म्हळ्यार रामायणाचें आर्विल्लें रूप.

**21.** इतिहासीक भासविज्ञानाची खंयची पद्धत मुळावे उतरावळीच्या आधारान वावर करता ?

(A) बोली भुगोल

(B) एकभाशीक पुनर्रचणूक

(C) भाशीक काळनिर्णय

(D) तुलनात्मक पद्धत

**22.** अणकारीत साहित्यकृती आनी ती अणकारपी हांच्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| (a) | रोसाळ कोंकणी ज्ञानेश्वरी | (i) | के. अनंत भट |
| (b) | लुझितायण | (ii) | सुरेश आमोणकार |
| (c) | गिताय | (iii) | मनोहरराय सरदेसाय |
| (d) | रामचरितमानस | (iv) | बाकीबाब बोरकार |
| | | (v) | ओलिविन्यु गॉमिश |

| | *(a)* | *(b)* | *(c)* | *(d)* |
|---|---|---|---|---|
| (A) | (iii) | (iv) | (ii) | (i) |
| (B) | (ii) | (iii) | (iv) | (v) |
| (C) | (ii) | (v) | (iv) | (i) |
| (D) | (v) | (iii) | (ii) | (iv) |

**23.** हांतूतल्या खंयच्या कोंकणी लेखकाक हिंदी भाशेचे साहित्यसेवे खातीर राष्ट्रीय पांवड्यावयलो पुरस्कार मेळ्ळा ?

(A) ओलिविन्यु गॉमिश

(B) रवींद्र आमोणकार

(C) नागेश करमली

(D) रवीन्द्र केळेकार

**24.** मूल्य आनी संप्रेषण सिद्धांत हांतल्या कोणें सांगला ?

(A) आय.ए. रिचर्डस्

(B) टी.एस्. इलिएट

(C) लोंजाइनिस

(D) सार्त्र

**25.** व्याख्या आनी व्याख्याकार हांच्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| (a) | शब्दार्थौ सहितौ काव्यम् | (i) | वामन |
| (b) | काव्यशोभाकरान् धर्मानलंकारान् प्रचक्षते | (ii) | भामह |
| (c) | काव्यस्यात्मा ध्वनिः | (iii) | आनंदवर्धन |
| (d) | काव्यं ग्राह्यमलंकारात्/सौदर्यमलंकारः | (iv) | दण्डी |
| | | (v) | भारत |

| | *(a)* | *(b)* | *(c)* | *(d)* |
|---|---|---|---|---|
| (A) | (ii) | (iv) | (iii) | (i) |
| (B) | (iii) | (ii) | (v) | (iv) |
| (C) | (iv) | (v) | (iii) | (i) |
| (D) | (v) | (i) | (iv) | (ii) |

26. मुंडारी ही खंयच्या भाशे-कुळांतली भास ?

(A) भारतीय-येवरोपी

(B) द्रवीड

(C) ऑस्ट्रो-आशियाई

(D) सिनो-तिबेटी

27. आलोचक तटस्थ, आस्वादकीय आनी निष्पक्ष आसूंक जाय अशें -

(A) रिचर्डस म्हणटा

(B) मॅथ्यू अर्नोल्ड म्हणटा

(C) ॲरिस्टॉटल म्हणटा

(D) दो. जॉन्सन म्हणटा

28. 'फोव घालप' ह्या वाक्प्रचाराचो फावो तो अर्थ खंयचो ?

(A) फटोवप

(B) मार दिवप

(C) तोखणाय करप

(D) शरण वचप

29. उल्हास बुयांव हांकां 'कोंकणी शाहीर' ही पदवी मेळ्ळी, कित्याक -

(A) उल्हास बुयांव कोंकणी शायरी करताले

(B) ओपिनियन पोलावेळार कोंकणी भौसाची गीतावरवीं जागृताय करपाचें भौ मोलादिक काम तांणी केलें

(C) तेन्ना अशेतरेच्यो पदव्यो दिवपाची चाल आसली

(D) उल्हास बुयांव आपणाल्या रचनांक आपुणूच संगीत दिताले

**30.** हातूंतलें खंयचें वाक्य बरोबर ?

(A) जेस फेर्नांडीस हांगेल्या 'किरवंट' कथां-झेल्याक गोवा कला अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला

(B) जेस फेर्नांडीस हांगेल्या 'किरवंट' कवितां-झेल्याक केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला

(C) जेस फेर्नांडीस हांगेल्या 'किरवंट' कवितां-झेल्याक गोवा कला अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला

(D) जेस फेर्नांडीस हांगेल्या 'किरवंट' कथा झेल्याक जनगंगा पुरस्कार फावो जाला

**31.** पुस्तकाचे उजवाडावणेच्या वर्साक धरुन क्रम लायात.

(i) देवाचीं येकांग्र बोलणीं

(ii) दॅक्लारासांव दा दौत्रिना क्रिश्तां

(iii) दौत्रिना क्रिश्तां एं लिग्वां ब्रामाना कानारीं

(iv) सांक्तु आंतोनीचीं अचर्यां

(A) (ii), (iii), (iv), (i)

(B) (iii), (ii), (iv), (i)

(C) (iii), (ii), (i), (iv)

(D) (ii), (iii), (iv), (i)

**32.** 'जाग' हे प्रकाशन संस्थेचे संस्थापक, प्रकाशक कोण ?

(A) रवीन्द्र केळेकार

(B) गुरुनाथ केळेकार

(C) सुमन्त केळेकार

(D) यशवन्त केळेकार

33. दादा वैद्य हांणी खंयच्या कोंकणी-मराठी नेमाळ्याचें संपादन केल्लें ?

(A) विविधज्ञान विस्तार

(B) नवें गोंय

(C) प्राची प्रभा

(D) गोमंत भारती

34. 'औचित्य हें रसाचें जीवित' अशें हांतल्या कोणे म्हळां ?

(A) क्षेमेंद्र

(B) भामह

(C) दण्डी

(D) हेमचंद्र

35. काशिनाथ श्रीधर नायक हांकां शणै गोंयबाब कोंकणीचो अशोक म्हणटाले कारण -

(A) कोंकणीचो प्रसार करपाखातीर ते सम्राट अशोकावरी वावुरले

(B) शणै गोंयबाबाक अशोकाचो रूख भौच रूचतालो

(C) काशिनाथ श्रीधर नायक हांणी आपणाल्या छापखान्याचें मानचिन्न अशोक चक्र दवरिल्लें

(D) काशिनाथ श्रीधर नायक हांचे आनी शनै गोंयबाबाचे चरित्र अशोकावरीं उदात्त आशिल्ले

36. साहित्यकृती आनी पात्रां हांच्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| (a) | काळी गंगा | (i) | शांती |
| (b) | भोगदंड | (ii) | शंकर |
| (c) | वादळ आनी वारें | (iii) | सुमन |
| (d) | अच्छेव | (iv) | जेमा |
| | | (v) | आंतोनेत |

| | *(a)* | *(b)* | *(c)* | *(d)* |
|---|---|---|---|---|
| (A) | (iii) | (iv) | (i) | (ii) |
| (B) | (ii) | (v) | (iv) | (i) |
| (C) | (iii) | (iv) | (ii) | (v) |
| (D) | (ii) | (iv) | (v) | (ii) |

37. ‘आलिशा’ सिनेमाचें कथानक हांतल्या खंयच्या विशयाकडेन संबंधीत आसा ?

(A) पर्यटन उद्योग

(B) खण उद्योग

(C) नुस्तेंमारी उद्योग

(D) येरादारी उद्योग

38. शणै गोंयबाबांल्या मत्तान ‘आमगेली भास एकरूपी जावन ती घसघशीत वाडूंक जाय जाल्यार -

(A) कोंकणी बरोवप्यांनी परक्या भासांतल्या पुस्तकांची रूपांतरां करुंक जाय

(B) आमीं एक कोंकणी म्हयनाळें देवनागरी लिपींत काडूंक जाय

(C) कोंकणी लोकवेदाची खण उस्तुपाक आमी पेंगट बांदून वावरूंक जाय

(D) तिची एकूच लिपी थारावंक जाय

39. ‘आय’ ‘आव’ ‘ओय’ ‘ओव’ हे सारकेल्या नादांक स्वनांचे खंयचे जातींत बसोवं येता ?

(A) एकोडे स्वर

(B) अर्द स्वर

(C) जोड स्वर

(D) व्यंजन स्वर

40. वाक्य पूर्ण करात -

वेगळ्या वेगळ्या कुळांतल्या भारतीय भासां भितर आयिल्ल्या थळाव्या सारकेपणाक लागून भारताक आयज -

(A) एक ‘उपखंड’ लेखतात

(B) एक ‘भाशीक वाटार’ लेखतात

(C) एक ‘सांस्कृतीक वाटार’ लेखतात

(D) एक ‘भौभाशीक वाटार’ लेखतात

41. हांतलें खंयचें उतर शुद्धलेखनाचे नदरेन बरोबर आसा?

(A) पवित्र ताय

(B) राजयकान्ती

(C) अनूभावार्थि

(D) सूनीतिकूमार चटर्जि

42. हांतले खंयचे नादा-जोड्येंतलें वेगळेपण नाद-पट्टयांच्या अवस्थांचेर आधारिल्ले आसा?

(A) ट् - ठ्

(B) ट् - त्

(C) ट् - ड्

(D) ट् - ण्

43. गोदूबाय केळेकार; कमलादेवी राव-देशपांडे ह्यो हांतल्या कोणाक समकालीन जावन आसात?

(A) मीना काकोडकार

(B) विजयाबाय सरमळकार

(C) कुमुदिनी केळेकार

(D) जयमाला दणायत

44. हांतली खंयची लेखिका प्रकाशन वेवसायांत वावुरता ?

(A) हेमा नायक

(B) जयंती नायक

(C) प्रशान्ती तळपणकार

(D) माया खरंगटे

45. मैथिली, गौडी, पांचाली आनी वैदर्भी ह्यो संकल्पना कसल्यो ?

(A) शब्दशक्तीच्यो

(B) औचित्याच्यो

(C) व्यंजनेच्यो

(D) काव्यशास्त्रांतल्या रीतींच्यो

**हो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरोवंच्यो.**

जसो जसो मनीस सभ्य जाता, शिश्ट जाता, समाजाचे नदरेन सुसंस्कृत जाता तशी तशी ताका दुखांची आडखळ जाता. तो मागीर हात जोडटा. मेळत थंय मेळत ताका हात जोडटा. जोडुंया. आमी हात जोडुंया. जें जें सुंदर, जें जें सोबीत, जें जें नितळ, निवळ, निर्मळ – ताका आमी हात जोडुंया. पुणून दुखांची भासूय आमी शिकुंया. दोन हातांच्या नमस्कारापरस दोळ्यांतलीं दोन दुखां म्हाका ल्हव आवाजांत सांगतात – मनशांतलें मनीसपण मरुंक ना. हें पळय तें जितें आसा.

फांसार वचचे पयलीं जेलरान गुन्यावकारक विचारिल्लें–तुजी निमणी इत्सा किदें ? गुन्यायकारान सांगलें – म्हाका खीणभर रडूं दी. आनी दोळ्यांत घळघळीत दुखां काडून तो खीणभर रडलो आनी मोन्यांनी फांसार गेलो. ताचे मडें सकयल देंवयलें तेन्ना ताच्या गालावेलीं दोन जितीं दुखां जेलरान आपल्या लेंसान पुसलीं. पयलेच फावटी जेलराच्या दोळ्यांतूय दुखां आयलीं.

46. मनीस सभ्य जाता तेन्ना कितें घड्टा ?

(A) मनीस सभ्य जाता तेन्ना ताका दुखांची आडखळ जाता.

(B) मनीस सभ्य जाता तेन्ना ताका दुखांची आडखळ जायना.

(C) मनीस सभ्य जाता तेन्ना तो चड अडेचो वागता.

(D) मनीस सभ्य जाता तेन्ना तो हेरांची पर्वा करिना.

47. मनशातलें मनीसपण मरुंक ना अशें आमीं केन्ना म्हणूंक शकतात ?

(A) जेन्ना आमीं हात जोडटात तेन्ना.

(B) जेन्ना आमीं पांयां पडटात तेन्ना.

(C) जेन्ना दोळ्यांत दुखांची भास आसता तेन्ना.

(D) जेन्ना दोळ्यांत सुखाचो भास आसता तेन्ना.

**48.** दुखां आमकां कसलो आनंद दितात ?

(A) हांसपांचो आनंद (B) रडपांचो आनंद

(C) रडोवपाचो आनंद (D) सुखाचो आनंद

**49.** गुन्यांवकाराची निमणी इत्सा –

(A) जेलराच्या काळजाक मोव करता (B) जेलराक खोळसांनी रडयता

(C) जेलराक राग हाडटा (D) जेलराच्या दोळ्यांत दुखां हाडटा

**50.** ह्या उताऱ्यांक हांतलो खंयचो माथाळो फाव जाता.

(A) दुखांचे मनीसपण (B) मनशाचे मनीसपण

(C) खोशी दिवपी दुखां (D) सूख दिवपी दुखां

- o O o -

**Space For Rough Work**